# मनशाच्या दुदाचो बेकायदेशीर वेपार करतल्यांचेर कारवाय करपाची शिटकावणी

ता. 12 जून 2024

अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान मनशाच्या दुदाचो बेकायदेशीर वेपार करतल्यांचेर कारवाय करपाची शिटकावणी दिल्या. भारतीय अन्न सुरक्षा आनी मानक प्राधिकरण (FSSAI) कायदो, 2006 च्या नेमांप्रमाण मानवी दुदाचेर प्रक्रिया करपाक वा विक्री करपाक परवानगी ना, हाची अन्न वेवसायिकांनी नोंद घेवची. मानवी दूद आनी ताच्या पासून तयार केल्ल्या उत्पादनांचो वेपार करपाक कायद्यान बंदी आसा. ह्या कायद्याचे उल्लंघन करून वेपार करप्यांआड कारवाय जातली, अशें अन्न आनी वखदां प्रशासन संचालनालयान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/258

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.